Panaji Regional 4th January 2026 7.20pm

२०१४ सावन खेळा मळार भारताच्या कामगिरीत सातत्यान  सुधारणा जायत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां.

2027 मेरेन साखळे शार शंभर टक्के एक आधुनिक सोयीनी युक्त अशे शार आपुण करतलो अशे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं म्हळां.

वेंचणूक आयोगान ECINet  ॲपात, सुधारणा करपाखातीर नागरिकां कडल्यान  सुचोवण्यो मागयल्यात. नागरिक 10 तारखे मेरेन आपल्यो सुचोवण्यो सादर करूं शकतात.

नुस्तेमारी संचालनालय 9 ते 11 जानेवारी  मेरेन कांपालार अक्का गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करतले.

PM Varanasi – 90

२०१४ सावन खेळा मळार भारताच्या कामगिरीत सातत्यान  सुधारणा जायत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. तांणी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत 72व्या राष्ट्रीय व्हॉलीबॉल सर्तीचें व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं उक्तावण केले, त्या वेळार ते उलयताले.

तांच्या सरकारान राष्ट्रीय खेळा प्रशासन कायदो आनी खेलो भारत धोरण २०२५ ह्या सारख्या उपक्रमां वरवीं  खेळां मळार जायत्यो सुदारणा आनी  बदल केल्यात अशें तांणी मुखार सांगले.

खेळां मळार सरकाराच्या यत्नांचेर भर दितना मोदी हांणी सांगलें, सरकार वेगवेगळ्या आंगांचेर काम करता, जातूंत प्रतिभा वळखप,योग्य प्रशिक्षण,पोशक आहार दिवप आनी पारदर्शक निवड प्रक्रिया हांचो आस्पाव जाता.

CM – 150

साखळी मतदारसंघाचे आमदार तशेच मुख्यमंत्री म्हणून काम करता आसताना फाटल्या पंधरा वर्षांच्या काळात साखळी शाराक गोंयचे एक आदर्श शार करपाच्या बाबतीत वेगवेगळया उदरगतीच्या कामांच्या माध्यमातल्यान आपुन प्रयत्न करीत आसा. साखळेच्या उदरगती संदर्भात आज मेरेन 80% कामा पुराय जाल्यात. 2027 मेरेन साखळे शार शंभर टक्के एक आधुनिक सोयीनी युक्त अशे शार आपुण करतलो अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उत्तायलें. शारी विकास खाते आनी साखळे नगरपालिका हांच्या जोडपालवान वाळवंटी रीवर फ्रंट चे सोबितीकरण आनी उदरगतीच्या कामाची पायाभरणी केल्या उपरांत मुख्यमंत्री उलयताले. ह्या वेळार सांखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू, उपनगराध्यक्ष दयानंद बोर्येकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.आपल्या उलोवपांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं सांगले, साखळी वाळवंटी न्हयेच्या काठार जावपी या महत्त्वकांक्षी प्रकल्पाचेर स कोटी रुपया खर्च येतलो. हातून बालोद्यान,ओपन जिमखाना, सभाघर यासारख्यो सुविधा आसतल्यो. साखळी नगरपालिकेच्या सर्वांगीण उदरगती खातीर मुख्यमंत्री तशेच आमदार यां नात्यान मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत यांचे महत्त्वाचे मार्गदर्शन आनी योगदान मेळटा अशे नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणे सांगले. प्रसाद सरनाईक हाणीं सूत्रसंचालन आणि उपकाराचे उलोवप केले.

ECI – 60

वेंचणूक आयोगान ECINet अॅपात, सुधारणा करपाखातीर नागरिकां कडल्यान सुचोवण्यो मागयल्यात. अॅपातल्या 'Submit a Suggestion' टॅबचो वापर करून नागरिक आपल्यो सुचोवण्यो दिवपाक शकतात. ह्या म्हयन्याचे 10 तारखे मेरेन आपल्यो सुचोवण्यो सादर करूं शकतात. ECINet अॅप हे नागरिकांखातीर एक एकीकृत ऐप आसा, जातूंत ह्या आदीचे Voter Helpline App, cVIGIL, Saksham, Polling Trends आणि Know Your Candidate App यांसारके सुमारे ४० स्वतंत्र वेंचणूक विशींचे अॅप्स एकाच इंटरफेसात एकीकृत केल्यात.

Arolkar -Mahesh - 90

गांवगिऱ्या वाठारांतल्यो शिक्षणीक संस्थां आतां शिक्षणाच्या मळार बरी प्रगती करता. शालांत परीक्षेचो निकालुई बऱ्या दर्जाचो लागचो, हे खातीर पालक, शिक्षक आनी विद्यार्थी

खूब कश्ट घेतात. त्याच अनुषंगान पालयेतल्या आयडियल हायस्कूलाखातीर सगळ्यो सुविधा सरकार मार्फत दिवपाचें उतर  मांन्द्रेचे आमदार जीत आरोलकर हाणी दिले. पालयेंतल्या आयडियल हायस्कुलाच्या वर्सुकी खेळां महोत्सवाचें उक्तावण केल्या उपरांत मुखेल सोयरो म्हणून ते उलयताले. शिक्षणाबरोबरच विद्यार्थ्यांनी खेळां मळाक तितलोच वाव दिवपाची गरज आसा अशे आरोलकार हाणी मुखार सांगले. खेळां मोगींनी खेळां मळा वरवीं गांव, तालुको  आनी राज्याचें नांव राष्ट्रीय पांवड्यार व्हरपाचें काम करचें अशे तांणी म्हळें.

Morjim Mahesh – 30

खिंद मोरजी हांगा शापोरा न्हंयचे देगेर नवी संरक्षण वण्ट बांदपाचें काम शिंपणावळ खात्या खाला आमदार जीत आरोळकार हांणी केलें. ह्या वेळार प्रकल्पाच्या उक्तावण सुवाळ्याक पंच स्वप्नील शेतगांवकार आनी हेर  मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

DIP – 115

गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालनालया वतीन 9 ते 11 जानेवारी 2026 मेरेन कांपालार दयानंद बांदोडकर मैदानाचेर अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचे आयोजन करतले. गोंयचे विद्यार्थ्यी आनी सर्वसामान्य लोकांक नुस्तेंमारी वेवसाया संबंदीत शिक्षणीक आनी तंत्रज्ञानाचो अणभव करून दिवपा खातीर दर वर्सा विशेश पद्दतीन हो महोत्सव आयोजीत करतात. महोत्सवात वेगवेगळया जातींचे नुस्तें आनी सागरी जीवांवळींच्या प्रदर्शना सयत वेग वेगळयो सर्ती, खाणां-जेवणांचे स्टॉल्स, लोकनाच आनी हेर करमणूक कार्यक्रमांचे आयोजन करतले.

नुस्तेमारी वेवसायिकांक सरकारी येवजण्यों आनी नुस्तेंमारी वेवसायांतल्या आधुनिक तंत्रज्ञानाची म्हायती करून दिवप तशेंच तरणाट्यांक ह्या वेवसायाकडेन आकर्शीत करप हो अक्वा गोवा मेगा फिश महोत्सवाचो उद्देश आसा. गोंय राज्य नुस्तेंमारी संस्कृती आनी वेवसायाखातीर फामाद आसून लोकांनी महोत्सवाक भेट दिवन महोत्सव यशस्वी करपाक सहकार्य करचे, अशें नुस्तेमारी संचालनालयान मागला.

Subhash – 90

विवेकानंद केंद्र कन्याकुमारी गोंय फाट्यांन राज्यांतल्या तरनाट्यां खातीर रस्तो नाट्य सर्तीचे आयोजन केलां. अभिव्यक्ती पणजी ह्या संस्थेच्या जोड पालवान ही सर्त जातली. १६ ते २५ वर्सा पिरायेचे शाळा महाविद्यालयां वा खयंच्याय सांस्कृतीक संघटणेचे वांगडी ह्या रस्तो नाट्य सर्तीत वांटेकार जावंक शकतात. कोंकणी , मराठी , हिंदी वा इंग्लीश भाशेंतले हें रस्तो नाट्य - स्वामी विकेकानंदाच्या सपनातलो तरनाटो वा स्वयंपूर्ण गोंय ह्या विशयाचेर आसपाक जाय. चडान चड धा मिनीटांचो कालावधी सादरीकरणा खातीर मेळटलो. ही सर्त १०

जानेवारी दिसा परवरेच्या विद्या प्रबोधिनी संकुलात जातली. ६ जानेवारी मेरेन सर्ती खातीर नोंदणी करप आवश्यक आसा.

DIP – 60

फाल्या सोमारा 5 जानेवारी 2026 दिसा सकाळी 9.00 ते दनपारां 1.00 वरा मेरेन हरमलच्या 200 केव्हीए पेट्रोल पंप फिडरावयल्यान हरमल ग्रामपंचायत क्षेत्रातलो मदलोवाडो, कोरखणकरवाडो आनी पेट्रोल पंपाच्या सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

तशेंच सांजे 2.30 ते 6.00 वरा मेरेन 200 केव्हीए पार्सेकर कॉलेज फिडरावयल्यान हरमल ग्रामपंचायत क्षेत्रातलो मदलोवाडो आनी पार्सेकर कॉलेजीच्या सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

Weather – 90

आयतारा पणजेंत चडांत चड तापमान 33.5 अंश आनी मुरगांवां 31 अंश आशिल्लें. फुडले स दीस राज्यांतलें चडांत चड तापमान 31 ते 33 अंश सेल्सियस मदीं उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. शेनवारा सकाळीं पणजे सयत हेर सुवातींनी दाट धुकें पडिले. आयतारा पणजेंत उण्यांत उणें तापमान 21.5 अंश आनी मुरगांवां 21 अंश सेल्सियस नोंद जालां. 9 जानेवारी मेरेन राज्यांतलें उण्यांत उणें तापमान 19 ते 21 अंश सेल्सियस मदीं उरपाची शक्यताय आसा. फुडले स दीस राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा आनी ह्या काळांत सकाळीं मध्यम धुकें पडपाची शक्यताय आसा.

Cricket – 90

विजय हजारे ट्रॉफी एलीट क्रिकेट सर्तींत गोंय पंगडाक उत्तराखंड पंगडा आड 7 विकेटींनी हार घेवची पडली. जयपूरांतल्या के.एल. सैनी स्टेडियमाचेर जाल्ले मॅचींत गोंयान पयलीं बॅटींग करतना 49.1 ओव्हरीनी 270 धांवड्यो केल्यो. उत्तराखंडान 46.2 ओव्हरींनी फक्त 3 विकेटी व्हगडावन 274 धांवड्यो करून जैत जोडलें. उत्तराखंडान टॉस जिखून पयलीं गोंयाक बॅटींग करपाचें आमंत्रण दिलें. गोंयचो ओपनर स्नेहल कवठणकारान 114 बॉलांनी 13 चवके आनी एक सक्या संयत १०५ धांवड्यो केल्यो. पांच मॅचींतल्यान तीन जैतां आनी दोन हारी सयत गोंय 12 गूण घेवन 'क' गटांत चवथे सुवातेर आसा. गोंयची फुडली मॅच 6वेर पंजाब पंगडा आड जातली.